राष्ट्रीय खबरो 20.09.2025 @ 6.30pm

प्रधान मंत्री .नरेंद्र मोदी यांनी भावनगर हांगा 'समुद्र से समृद्धी' कार्यक्रमात ३४,२०० कोटी रुपयांपेक्षा चड किमतीच्या खुपशा विकास प्रकल्पांचे उद्घाटन केले आणि बुन्याद घाली. या प्रकल्पांमदी ७,८०० कोटी रुपयांपरस चड किमतीचे व्हड दर्य प्रकल्प आसपावतात प्रधान मंत्रयानी बंदर आणि जहाजबांधणी मंत्रालयाची ६६,००० कोटी रुपयांची २१ सामजीकायेची कबलात व्हर्च्युअल पद्धतीन समर्पित केली

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आत्मनिर्भर भारताच्या वाटचाली विशी सांगले

विशाल INS विक्रांत भारतातच तयार जाला इतलेच न्हय तर ताका लागपी स्टील भारतातलेच. ह्या कंपनीक लागपी पुराय सुविधा आनी राजनितीक आदार आसतलो अशे प्रधानमंत्रयान म्हळा

अहमदाबाद-मुंबय बुलेट ट्रेनीचो पयलो भाग २०२७ मेरेन कार्यान्वित जातलो, अशे रेल्वेमंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगले. नवी मुंबईतल्या घणसोली आणि शिळफाटा बोगद्यांच्या कामाच्या सुरुवाती उपरांत माध्यमांकडे उल्यताना त्यांनी माहिती दिली की, प्रकल्पा चो ठाणे विभाग २०२८ मेरेन पू राय जातली. त्या उपरांत मुखावेल्या वर्सा वांद्रे कुर्ला कॉम्प्लेक्स मेरेन विभाग सुरू जातलो. एकदा पूराय जाले उपरांत, ही बुलेट ट्रेन अहमदाबाद आणि मुंबय मजगतीचो प्रवास वेळ २.७ वरामेरेन कमी जातलो आणि या मार्गा वेल्या मुखेल आर्थिक केंद्रां क जोडटले अशे तांणी सांगले

सेवा परववाडा वेळार गुजरात शारात आयोजित ब्लड डोनेशन अभियानाअंतर्गत एक लाख लोकांनी रक्तदान केले तरीच हेर राज्यांनी सफाई अभियान भलायकी शिबीरां अशो कार्यावळी घडोवन हाडल्यो अशे प्रधानमंत्र्यान सांगले

कर रचना सुलभ करपाक आणि नागरिका वेलो आर्थिक भार कमी करपाक एक इतिहासिक पाऊल म्हणून, next gen जीएसटी सुधारणा वरवी नवीन कर दर

सोमवार सावन लागू करतले केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हाणी म्हणले की, देशातल्या  नागरिकांच्या हिताखातीर  जीएसटी स्लॅबात सुधारणा केल्यात. जीएसटी उणी जाल्ल्यान ह्या म्हयन्याच्या 22 तारखे सावन लोकांक सामकेच उण्या दरांत माल विकतें घेवंक मेळटलें अशी म्हायती तानी  दिली 375 वस्तूंचे जीएसटी दर उणे केल्यात हाका लागून लोकांक सण मनवपाक मजत जातली अशें तांणी सांगलें.

शिक्षण मंत्रालयाच्या शालेय शिक्षण आणि साक्षरता विभागान आमचे माननीय प्रधान मंत्री . नरेंद्र मोदीच्या ७५ व्या वाढदिसानिमित्त पुराय भारतात सगळ्यां शाळां क '' "चलो जीते है" हो चित्रपट दाखोवपाचे निर्देश दिल्यात.

आशिया कप क्रिकेटात काल राती अबू धाबीत शेख झायेद स्टेडियमर जाल्या गट अ च्या निमण्या खेळात भारतान ओमानाचो 2। धावडयांनी  पराभव  केलो. पयली फलंदाजी करताना भारतान २० षटकांत ८ गडे वगडावन १८८ धावद्यो केल्या.

भारतीय  हवामान खात्यान फुडले तीन दीस अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा हांगा काय  सुवातिनी  हलको ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास काडला. ह्या म्हयन्याचे 25 तारखे मेरेन मध्य आनी दक्षिण द्वीपकल्प भारतात  काय  सुवातिनी  पावस पडपाची शक्यताय आसा. फाल्यां मेरेन अंडमान आनी निकोबार जुंवे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, अस्तंत  बंगाल, सिक्किम, बिहार, छत्तीसगड, उदेंत  राजस्थान, गुजरात, झारखंड, महाराष्ट्र, वीजे वांगडा गडगड मारपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.